**Panaji Regional News**

**22 May 2026** **7.20pm**

**१६५ हस्तकला प्रदर्शन**

गोंयच्या हस्तकारागीरांनी ,तशेंच आप मजत गटांनी तयार केल्यो पारंपारीक वस्तुं गोंयकारांनी विकत घेवच्यो.पारंपारीक वस्तु हयो पर्यावरणपुरक आसतात अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी आदीवासी हस्तकला प्रदर्शनाचे उक्तावण केल्या उपरांत म्हळा. कला अकादमीतआयज आनी फाल्या अशा दोन दीस आयोजी हया प्रदर्शनाचे आयोजन गोंय आदीवासी कल्याण संचालनालयान,गोंय हस्तकला कार्यालयतशूंच आदीवासी संशोधन केंद्राच्या जोडपालवान केला.गोंयाक 2037 मेरेन स्वयंपुर्ण करतना गांवगिऱ्या वाठारात तयार जावपी वस्तुंक मार्केट मेळचे तशेंच हयो वस्तु तयार करप्यांक अर्थिक घटसाण मेळची म्हण सरकारान तरेकवार उपक्रम चालीक लायल्यात अशे मुखेलमंत्री सावंत हांणी म्हळा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी vocal for lcal and local for global हया चालीक लायील्ल्या संकल्पनेक जणएकल्यान तेको दीत जाल्यार विकसित भारत 2047 करपात ती महत्वाची बाब थारतली अशे तांणी म्हळा.हयावेळार आदीवासी कल्याण खात्याचे मंत्री रमेश तवडकार, कला अकादमीचे अध्यक्ष चंद्रकांत कवळेकार तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.आयज आनी फिल्या अशा दोन दीस चलपी महोत्सवात गोंयच्या वेगवेगळ्या गिंवगिऱ्या वाठारातल्या आप मजत गटांनी तशेंच हस्तकारागीरांनी तयार केल्ल्या वस्तुंची 21 दालना आसात. हातुन काथ्यापासुन तयार केल्ल्यो वस्तु,पुरूमेताचे सामान,हीरांची सारण,विणकाम,कुणबी सिडी,बांबीतशेंच मातयेपासत तयार केल्ल्यो वस्तु,नाल्लाच्या कट्टेपासुन,लाखडी, तशेंच तयार वस्तु उपलब्ध असात.

**विश्वजीत राणे**

नर्सींचो पेशा हो भलायकी मलावेलो महत्वाचो घटक जांवन आसा. जेन्ना लोक भलायकेची आसा सोडटात, तेन्ना तांका धीर दिवन योग्य वेळार , योग्य उपचांर दिवंन तांची कुयदात घएंवन नर्स त्य दुयेतींक घटमुट करता. सकारात्मक मानसिकताय, प्रशिक्षित हात आनी कणखर व्यक्तीमहत्व आशिल्ले काळीज म्हणल्यार भलायीक पेशातली नर्स शे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला. ते भारतीय प्रशिक्षीत नर्सी असोसिएशन (टीएनएआय), गोवा शाखेन आपली चवथी वर्सुकी राज्य परिशद “नॅशनल कन्व्हर्जन्स 4.0”च्या कार्यावळीत उलयतालेहया परीशदेदरम्यान , नर्सिंग वेवसायीक, भलायकी तज्ञ, आनी प्रतिनिधी एकठांय हाडून भलायकी जतनाय क्षेत्रांतल्या प्रगती आनी आव्हानां विशीं चर्चा केली.गोंयांत जावपी रकेन्सर हॉस्पिटलांत आनीक ६०० नर्सिंची भरती करतले अशी म्हायती तांणी हयावेळार दिला. तशेंच पुणे आनी मुंबयच्या प्रशिक्षित दोतोरांकडल्यान गंयच्या नर्सींक प्रशिक्षण सरकार दितले अशे तांणी म्हणला. हयावेळार तांच्य हस्तुकी नर्स पेशात बरे काम केल्या मानेस्तांचो भौमान जालो.

**डॉ. भारती नंबी**

गोंयची जमीन आनी वातावरण बांबू लागवडीखातीर पोशक आसा अशें बांबू शास्त्रज्ञ डॉ. भारती नंबी हांणी सांगले. गोंय राज्य जैवविविधताय मंडळान संवसारीक जैव विविधताय दिसानिमतान दोनापावलच्या लोकभवन सभाघरांत ते आयज उलयताले. हेक्टरी ४० हजार रुपयांच्या भांडवली

गुंतवणूकीवरवी केल्ली बांबू लागवड गोंयकारा खातीर लावकारक थारू येता असो हावेस डॉ. नंबी हांणी उक्तायलो. ह्या चर्चा सत्रात राज्याचे मुखेल वनपाल कमल दत्ता, शेतकी खातें संचालक संदीप फळदेसाई , कामेश सलाम, प्रा. आंद्रेया नोरोन्हा हांणी वाटो घेतलो. पुराय चर्चासत्राचे संचालन गोंय राज्य जैवविविधताय मंडळाचे वांगडी सचीव डॉ. प्रदीप सरमोकादम हांणी केले. आयज सांजे ह्या कार्यावळीत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तूकी २०२५ वर्साच्या पर्यावरण संवर्धना खातीरचे पुरस्कारांचे वितरण जातलें.

**पूरुमेंत बाजार**

गोंय सरकारचे ग्रामीण उदरगत महामंडळ आणि रवींद्र भवन साखळी ह्यांच्या जोडपालवान फाल्यां 23 आणि 24 मे 2026 या दोन दिवसा पूरुमेंत बाजार चें  आयोजन केला. फाल्या आणि परवां असे दोन दिस साखळीच्या हे आयोजन रवींद्र भवन सभागृहात जातलें. हे कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हुण मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले .त्यांचे सांगतान दिवचलचे आमदार डॉ चंद्रकांत शेटये, मय मतदारसंघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, साखळीची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू,  रवींद्र भवन चे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमूलकर आणि हेर मानेस्त हजर असतले. दोन दिस चलपी या पुरमेत बाजार कार्यावळीत जिज्ञासा तशेच हेर सांस्कृतिक कार्यवाळीचे आयोजन केला. तशेच विंगड विंगड वस्तुंचो  बाजार भरतलो.

**वैजकी शिबिर**

राजभास संचालनालय 25 मे 2026 दिसा पणजेच्या जुंटा हाऊसांत 5 व्या माळ्यार भास संशोधन कक्ष हंगा  वैजकी शिबिर आयोजीत केला..सिध्द वैजकी संशोधन युनिट, आयुष मंत्रालय भारत सरकार, हांचा जोद्पाल्वान  हें वैजकी शिबिर घडोवन हाडटले, जातूंत दोतोरांचो पंगड निदान करतलो आनी बऱ्या भलायके खातीर उपचार दितले जाका लागून सरकारी कर्मचाऱ्यांक भलायकी सांबाळपाक मजत जातली. वैजकी शिबिर मोफत  आसतले .सरकारी कर्मचाऱ्यांक तांच्या आदल्या दोतोरांच्या अहवाला वांगडा (आसल्यार) वयल्या दिसा सकाळीं 10.00 ते दनपारां 1.00 वरां मजगतीं वैजकी शिबिराक हाजीर रावपाची विनंती केल्या.

**खेळ**

खेळामळार मोलादीक योगदान दिवपी आनी सध्या भांगराळें महोत्सवी वरस मनोवपी मडगांवच्या दामोदर स्पोर्टस क्लबान आयतरा 24 मे क अखील गोंय पावंड्या वयली दादल्यांची कबड्डी सर्त आयोजीत केल्या. ही सर्त फातोड्डेच्या साग खेळा मैदानाचेर खेळयतले. संबंदीत सर्त  वी फोर फातोरडा हांच्या पालवान तशेंच साग आनी गोंय कबड्डी संघठणेच्यामान्यतायेन आयोजीत केल्या. सर्त सकाळीं धा वरांचेर सुरू जावन रातच्या णव वरांमेरेन चलतली. सर्तींत वस्तादपण जोडपी पंगडाक 51 हजार रुपया रोख आनी चषक भेटयतले जाल्यार उप वस्ताद पंगडाक 31 हजार रुपया रोख आनी चषक भेटयतले. सेमी फायनलीच्पा खेळांत हारपी पंगडांक तशेंच वैयकतीक कामगिरी करपी खेळगड्यांक रोख ईनामां आनी चषक भेटयतले. सरतिच्या उग्तावण सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हूण आमदार विजय सरदेसाय हाजीर रावतले जाल्यार सागाचे पालवी संचालक राजेश नायक हाजीर रावतले.

**हवामान**

हवामानांतल्या वेगवेगळ्या बदलांक लागून 22मे सावन 24 मे मजगतीं राज्यांत जोगलां आनी गडगड मारून पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. संबंदीत फाटभुंयेर  हवामान खात्यान आयज पावसा खातीर येलो एलर्ट ज्यारी केला.काल गोंयांत किरकोळ पावसाची नोंद जाल्या. आयज हवामान खात्यान तापमान नोंद केलां ते प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान 34.4 आनी उण्यांत उणे 27.8 अंश सेल्सिअस जाल्यार मुरगांवांत चडांत चड 34  आनी उण्यांत उणे.27.2अंश सेल्सिअस तापमानाची नोंद जाल्या. फुडले स दीस राज्यांत चडांत चड 32ते34 जाल्यार  उण्यांत उणे 27ते 28 अंश सेल्सिअस तापमान उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. 1 मार्च ते 21 मे मेरेन राज्यांत सरासरीन 39.3 मिमी पावस पडिल्ल्याची नोंद जाल्या. 25 ते 27 मे ह्या काळांत राज्यांत हवामान दमट उरतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

**कालोवणी**

आकाशवाणी पणजी  कैंद्राच्या प्रादेशीक खबरां  विभागावरवीं वृत्तनिवेदकाच्या पदाखातीर तात्पुरत्या कराराचेर  पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्लात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेंचे आसा.पिराय 21 ते 50वर्सां मजगती आसची. ताका कोंकणी भाशेचें गिन्यान आसपाक जाय.अर्ज करपाक निमणी तारीक  1 जून 2026 **आसा.**